# तुयां 'ग्रामलोक' कार्यावळ उमेदीन

■ भांगरभूंय | प्रतिनिधी

**पेडणें** : मौखीक साहित्य ते अक्षर साहित्य हातूंत सेतू उबारपाचें काम ग्रामलोक कार्यावळींतल्यान साहित्य अकादेमी देशभरांत करता. तातूंत गांवगिऱ्या वाठारांतले लोककलाकार आनी साहित्यीक हांकां प्रोत्साहन लाबता अशें फामाद साहित्यीक आनी साहित्य अकादेमीचे कार्यकारी मंडळाचे वांगडी डॉ. पुर्णानंद च्यारी हांणी सांगलें.

पंचायत तुयां आनी कोंकणी कलामाची पेडण्यां हांच्या जोड पालवान आयोजीत केल्ल्या ग्रामलोक कार्यावळींत अध्यक्ष ह्या नात्यान ते उलयताले. ह्या वेळार माचयेर तुयेंची सरपंच अनिता



कार्यावळींत उलोवप करतना डॉ. पूर्णानंद च्यारी. कुशीक सरपंच अनिता आनंद साळगांवकार, उपसरपंच मनोहर पेडणेंकार, पंच वांगडी सुलक्षा नायक आनी स्वीटी नायक.

आनंद साळगांवकार, उपसरपंच मनोहर पेडणेंकार, पंच वांगडी सुलक्षा नायक आनी स्वीटी नायक हाजीर आशिल्ली.

तुयेचे पंच उदय मांद्रेकार हांणी पंचायती वतीन सगल्यांक येवकार दिलो. साहित्य अकादेमीच्या कोंकणी सल्लागार मंडळाचे वांगडी कवी शशिकांत पुनाजी हांणी प्रास्तावीक उलोवप करून ग्रामलोक कार्यावळीची संकल्पना मांडली. उपरांत साहित्य सादरीकरण सत्रांत संतोष महाले हांणी कथाकथन, प्रियांका परब हांणी लोकसाहित्य आनी लोककला हांचेर विवेचन केलें. जॉकींम फर्नांडीस हांणी नाट्य सादरीकरण जाल्यार अद्वैत साळगांवकार हांणी पेडणें कोंकणी शैलींच्या वेगवेगळ्या आंगांनी उजवाड घातलो. सायली आजगांवकार हांणी काव्यवाचन केलें.

मैथिली शामसुंदर च्यारी हांणी गायिल्ल्या नमनान कार्यावळीक सुरवात केली. अशोक नायक हांच्या नेतृत्वा खाला लोककलाकारांनी रोमट सादर केलें. काजरेश्वर सॅल्फ हॅल्प पंगडान फुगडी जाल्यार मांगिरिश विद्यालय आरोबा आनी सरकारी मुळावी शाळा मदलोवाडो पार्शें हांणी लोकनाच सादर केलो. कार्यावळीचें सुत्रसंचालन रशी परब हांणी केलें. कोंकणी कलामाची पेडणेंचे अध्यक्ष प्रकाश तळवणकार हांणी उपकार मानलें. ह्या कार्यावळीक पंचक्रोशींतले सुमार 200 लोक वांटेकार जाल्लें.